**राष्ट्रपतीहस्तुकीं नव्या राजभवन प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयलो**

ता. 15 जून 2022

भारताचे राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांचे हस्तुकीं आयज दोनापावला हांगा नव्या राजभवन प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयलो. तांचे वांगडा तांची घरकांन्न श्रीमती सविता कोविंद आनी गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई उपस्थित आशिल्लें.

ताचें पयली जाल्ल्या भुमीपुजन सुवाळ्याक राष्ट्रपती सयत गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हजर आशिल्लें.

नव्या राजभवन प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्याक केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक, सभापती श्री. रमेश तवडकर, मंत्री, खासदार श्री. फ्रान्सिस सार्दिन, आमदार, मुख्य सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल, सरकारी सचीव, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती मामू हागे, म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालक श्री. दीपक बांदेकर आनी हेर सरकारी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी ह्या वेळार उलयताना सांगलें, सध्याची राजभवन इमारत इतिहासीक स्मारक म्हुण जतन करतले. नव्या राजभवन प्रकल्पाचे बांदकाम पुराय जालें उपरांत सध्याचे राजभवन पर्यटक आनी थळाव्यांक उक्ते करतले. सध्याच्या राजभवनाक इतिहासीक म्हत्व आसून ताच्या वास्तुकलेत कसलोच बदल करचें नात अशें तांणी फुडें सांगलें.

राज्यपालान आपल्या संपुर्ण गोंय दर्शन कार्यकमाचो उल्लेख करतना गोंयचो ग्रामीण वांठार सुंदर आनी सोबीत आसून गोंयांत अध्यात्मिक पर्यटनाक भरपूर वाव आशिल्ल्याचे म्हणलें. गोंय राज्याक स्वयंपूर्ण करपाखातीर लोकांनी तशेंच लोकप्रतिनीधीनीं सहकार्य करपाची मागणीय तांणी ह्या वेळार केली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रपतीक येवकार दितना गोंयांक स्वयंपूर्ण करपा खातीर राज्य सरकार केंद्र सरकाराच्या आत्मनिर्भर भारत अभियानाची कशें तरेन अंमलबजावणी करता हाची म्हायती दिली. राज्यांतल्या सामान्य लोकांच्या कल्याणाखातीर केंद्र पुरस्कृत येवजणांची अंमलबजावणी करतात. देशाचे प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी हालीच सुरू केल्ल्या अग्नीपथ येवजणेची गोंयांत अंमलबजावणी करपाखातीर राज्य सरकारान तयारी केल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंते श्री. उत्तम पार्सेकर हांणी नव्या राजभवन प्रकल्पाच्या बांदकाम आराखड्याची म्हायती दिली. मुख्य आर्किटेक्ट श्री. मर्विन गोम्स हांणी प्रकल्पाच्या वास्तुकलेची म्हायती दिली.

ह्या वेळार गोंयच्या उत्पादनांक भुगोलिक चिन्न मेळोवपाक योगदान दिल्ले गुरूदत्त भक्ता (फेणी), रत्नाकर वेळीप (खोला मिरची), लवू ठाकूर (हरमलची मिरची), अशोक धावस्कर (मैडोळी केळीं), राजाराम चणेकर (गोंयचे खाजे) , गोंय राज्य विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंडळाचे प्रकल्प विज्ञानिक दीपक कृष्णा परब आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खात्याचे संचालक डॉ. लेविन्सन मार्टिन हांचो राज्यपाल आनी मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं भोवमान केलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/416

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji